१०-१२-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- लोकसभेत आयज वेचणूक सुधारणांचेर परतून जातली चर्चा.
- नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान इंडिगो विमान कंपन्यांक गिमाच्या दिसांनी उड्डाणाची वेवस्था 10 टक्क्यांनी उणी करपाचो दिलो निर्देश.
- जागतीक सॉफ्टवेअर दिग्गज कंपनी मायक्रोसॉफ्ट भारतांत आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सांत 17.5 अब्ज डॉलर गुंतवणूक करतली.
- सोशल मिडियाचेर बंदी लागू करपी ऑस्ट्रेलिया थारलो संवसारांतलो पयलो देश.
- फुडले दोन दीस पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, अस्तंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, ओडिशा, महाराष्ट्र, उत्तर कर्नाटक, तेलंगणात थंड ल्हार येतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.
- भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी काल राती कटकात जाल्ल्या पयल्या टी 20 खेळात भारतान दक्षिण आफ्रिकेक १०१ धावण्यानी हारयले.

लोकसभा -

लोकसभा आनी राज्यसभेत आयज वेचणूक सुधारणांचेर परतून चर्चा जातली. लोकसभेत काल वेचणूक सुधारणांचेर चर्चा झाली. चर्चेंत उलयताना कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगले, काँग्रेसच्या काळात मतदार वळेरींचे SIR खूप फावटी केले मात आता विरोधी पक्ष हे प्रक्रियेचेर प्रस्न उप्राशित

करतात अशें तांणी सांगले.  स्वातंत्र्यापासून सगळयांक समान मतदानाचो अधिकार मेळ्ळा अशें सांगताना तांणी देशाच्या मतदान रचनेची तोखणाय केली.

वेचणूक सुधारणांचेर उलयताना लोकसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी  आनी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांणी मतदार वळेरेतल्या डुप्लिकेट मतदारांचो मुद्दो उप्राशित केलो. तांणी बिहारातल्या SIR चेर वेचणूक आयोगाक प्रस्न विचारलो आनी मतदान वळेरेत एक लाख २० हजार डुप्लिकेट फोटो आशिल्ल्याचोय आरोप तांणी हेवेळार केलो.

अमित शहा -

भारताचो सांस्कृतीक राश्ट्रवाद जागृत करपी आनी स्वातंत्र्य संघर्शाच्या काळांत जितलो प्रासंगीक आशिल्लो तितलोच तो आयज लेगीत प्रासंगीक आसा अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान काल सांगलें. राज्यसभेंत सोंग वंदे मातरमाच्या 150व्या वर्धापन दिसा चर्चा सुरू करतना शहान हें गीत प्रासंगीक उरतलें असो भर आपल्या उलोवपात दिलो.

नागरी विमान येरादारी

नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान इंडिगो विमान कंपन्यांक गिमाच्या दिसांनी उड्डाणाची वेवस्था 10 टक्क्यांनी उणी करपाचो निर्देश दिला. इंडिगोच्या विमान सेवांनी व्यत्यय आयिल्ल्यान आनी समस्या सोडोवपाक अपेस आयिल्ल्यान ह्या उणावाचें कारण सांगलें. अंदू नोव्हेंबरांत इंडिगोक 64 हजार 346 विमानां चलोवपाची परवानगी आशिल्ली पूण फकत 59 हजार 438 विमानां चलोवन 951 विमानां रद्द केल्यांत अशें महासंचालनालयान दिल्ले सुचोवणेंत सांगलां. स टक्क्यांनी वाड करून 403 विमानांची परवानगी आसून लेगीत इंडिगो कंपनीन नोव्हेंबरांत फक्त 344 विमानां चलयलीं.

नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान इंडिगोक आयज सांजवेळा 5 मेरेन सुदारीत विमान वेळापत्रक सादर करपाक सांगलां.

नडेला -

जागतीक सॉफ्टवेअर दिग्गज कंपनी मायक्रोसॉफ्ट भारतांत आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सांत 17.5 अब्ज डॉलर गुंतवणूक करतली. हाचो वापर एआय मुळाव्या साधनसुविधा आनी कुशळटाय विकासांत जातलो. मायक्रोसॉफ्टचे

सीईओ सत्य नडेला हांणी काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवन सोशल मिडिया पोस्टांत ही म्हायती दिल्या. भारताच्या महत्वाकांक्षेक आदार दिवपा खातीर मायक्रोसॉफ्ट आशियांत आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली गुंतवणूक करता अशें नडेला हांणी सांगलें. फुडल्या वर्सा 2026 ते 2029 मेरेन भारतांत 17.5 अब्ज डॉलर गुंतवणूक करपाची येवजण आसा अशेंय मायक्रोसॉफ्टान सांगलां.

प्रधानमंत्री - ७०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कृत्रिम बुद्धिमत्तेक ऊर्बा दिवपाखातीर आशियातल्या सगळ्यात व्हड गुंतवणूकेक येवकार दिला. तांणी कृत्रिम बुद्दिमत्तेत भारताच्या फुडारपणाविशी आस्त उक्तायली. पूराय संवसाराक कृत्रिम बुद्दिमत्तेत भारताच्या क्षमतेचेर विस्वास आसा अशें मायक्रोसोफ्ट्चे अध्यक्ष आनी सीईओ सत्या नडेला हांच्या सोशल मिडिया पोस्टाचेर प्रतिक्रिया दिताना तांणी सांगले. मायक्रोसोफ्टान आशियातल्या सगळयात व्हड गुंतवणूकेखातीर भारताची निवड केल्ल्याबद्दल तांणी खोस उक्तायलो. भारतातल्या तरणाटे ह्या संदीचो लाव घेतलेआनी ब-या फुडाराखातीर कृत्रिम बुद्दिमत्तेचो वापर करतले अशी आस्तूंय प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायली.

इटलीचो उपप्रधानमंत्री -

इटलीचो उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार आनी आंतरराष्ट्रीय सहकार मंत्री आंतोनियो ताजानी आयज सकाळीं तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर नवी दिल्लीत पावले. इटलीच्या उपप्रधानमंत्रीची ही दुसरी भारत भेट अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. तांची ही भेट भारत-इटली रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करतली अशी आस्त आसा .

ताजनी आयज नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्री एस.जयशंकर हांचे कडेन उलोवणी करतले आनी फाल्यां मुंबय वतले.

राश्ट्रपती - ८०

राश्ट्रपती द्रौपदी मूर्मू आयज नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमात मानवाधिकार दिसाच्या कार्यावळीत उलोवप करतल्यो. ही कार्यावळ राश्ट्रीय मानवाधिकार आयोगान आयोजित केल्या. १९४८त ह्याच दिसा मनीस हक्कांचो सार्वत्रिक जाहीरनामो स्वीकार केल्लो. सगळयांखातीर गरजेच्या भौशिक सेवांनी सन्माननीय प्रवेश सुनिश्चित करप हो ह्या वर्साच्या मानवाधिकार दिसाचो विशय आसा. राश्ट्रीय मानवाधिकार आयोग ह्या विशयाचेर राश्ट्रीय परिशद आयोजित करतले. प्रधानमंत्री कार्यालयातले प्रधान सचिव डॉ पी. के मिश्रा हांचे मुखेल उलोवप हेवेळार

जातले. राज्य मानवाधिकार आयोग, राश्ट्रीय आयोग, सरकार, नागरी समाज आनी शिक्षणीक संस्थांचे प्रतिनिधी ह्या परिशदेक वाटेकार जातले.

ऑस्ट्रेलियांत

संवसारांतली पयली सोशल मिडिया बंदी ऑस्ट्रेलियांत लागू जाल्या. ह्या कायद्या प्रमाण सोळा वर्सां सकयल्या लाखांनी भुरग्यांचे आनी किशोरवयीन सोशल मिडिया खातें बंद केल्यात. नव्या कायद्या खाला आतां किशोरां खातीर इंस्टाग्राम, फेसबूक, थ्रेड्स, एक्स, स्नॅपचॅट, किक, ट्विच, टिकटॉक, रेडिट, युट्युब सारकिले प्लॅटफॉर्म आडायतले.

नेम मोडल्यार पालक आनी भुरग्यांक ख्यास्त दिवची ना, पूण खंयच्याय उल्लंघना खातीर तंत्रगिन्यान कंपनींक 32 दशलक्ष डॉलर मेरेन दंड भरूं येता. तरणाट्यांक हानीकारक आशयांतल्यान राखण दिवपाचो हेतू आसा अशें सरकारान सांगलां. पूण जायत्या मुखेल तंत्रज्ञान कंपनींनी आनी अभिव्यक्ती स्वातंत्र्याच्या पुरस्कर्त्यांनी हे कृतीचो हुस्को उक्तायला, जाल्यार पालक आनी भुरग्यांच्या सुरक्षेच्या गटांनी ताका येवकार दिला.

'बर्च बाय रोमियो लेन'

शेनवारा लागिल्या भीरांकुळ उज्यात २५ जणांक मरण आयिल्या 'बर्च बाय रोमियो लेन' नाईटक्लबच्या चार मालकांपैकी एक अजय गुप्ता हाका गोवा पोलिसांनी ताब्यात घेतला. राज्य पोलिसांनी गुप्ता आणि दुसरो मालक सुरिंदर कुमार खोसला हाच्या आड लूक आऊट सर्क्युलर (LOC) जारी केले . अटकेची माहिती दितना गोवा पोलिसांचे प्रवक्तयानी म्हणाले की, या प्रकरणात अटक केल्ली ही सव्वी व्यक्ती . पोलिस अधिकाऱ्यांनी सांगले की, गुप्ताक गोयात हाडपाक औपचारिकता पूराय जाले उपरांत रोखडीच अटक करुले नाईटक्लबचे आनीक दोन मालक - सौरभ लुथरा आणि गौरव लुथरा - फरार आसात आणि त्यांचेआड ब्लू कॉर्नर नोटीस जारी केल्या. पोलिसांनी आतापर्यंत या प्रकरणात पाच जणांक अटक केल्या जातुन नाईटक्लबचे मुख्य महाव्यवस्थापक, महाव्यवस्थापक आणि बार व्यवस्थापक आसात.

## SIR 90

मुखेल वेचणूक आयोगान चालिक लायील्ल्या SIR मोहिमेक गोय
राज्यातले मतदार बरो प्रतिसाद दीत आसा .मुखेल वेचणूक अधिकारी

कार्यालयान जाहीर केले प्रमाण आता मरेन जी गणना फॉर्म सादर
केल्यात जे वट ११ लाख ८५, हजार ३१४ तदारांपैकी 99.93 %

आसात.
आजून मेरेन ज्या मतदारांनी आपले गणना फॉर्म सादर करूंक ना तानीते बेगीनात बेगीन मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सादर करचीअशे कार्यालयान मागला . फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११डिसेंबर मेरेन वाड्यल्या. मतदार त्यांचे गणना फॉर्म voters.eci.gov.in या पोर्टलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात. हे विशी dr rahuL Tripathi हाणी आपलो दृष्टिकोन मांडलो

हवामान -

फुडले दोन दीस पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, अस्तंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, ओडिशा, महाराष्ट्र, उत्तर कर्नाटक, तेलंगणा हांगा थंड ल्हार येतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयज सकाळीं हिमाचल प्रदेश, ओडिशा, उदेंत उत्तर प्रदेश, आसाम, मणिपूर ह्या वाठारांनी दाट धुकें पडले. मेघालय, नागालँड, मिझोरम, त्रिपुरातूय अशीच परिस्थिती आसा.

फुडल्या दोन दिसांत वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान दोन अंश सेल्सियस, आनी फुडल्या तीन दिसांत महाराष्ट्रांत दोन ते तीन अंश सेल्सियस देंवतलें. बंगालच्या नैऋत्य खाडी, तमिळनाडू आनी श्रीलंकेच्या दर्यादेग, मन्नार आखात आनी लागसारच्या कोमोरीन वाठारांतल्या कांय वाठारांनी प्रतिकूल हवामानाची परिस्थिती पातळटली.

क्रिकेट - 100

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच खेळांच्या ट्वेंटी-२० क्रिकेट खेळा माळेतल्या पयल्या खेळात काल राती भारतान दक्षिण आफ्रिकेक १०१ धावण्यानी हारयले. ओडिशातल्या कटकात बाराबती स्टेडियमात हो खेळ जालो. कुरुबावलो जिकून दक्षिण आफ्रिकेन पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. भारतान निर्धारित षटकात १७५ धावण्यो केल्यो. हार्दिक पंड्यान बेसबरो खेळ करताना ५९ धावंडयो केल्यो. उपरांत दक्षिण आफ्रिकेचो डाव ७४ धावण्यातूच सोपलो. भारताकडून अर्शदीप सिंग, जसप्रीत बुमराह, वरुण चक्रवर्ती आनी अक्षर पटेलान दरेकी दोन गडे बाद केले.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदलो दुसरो टी ट्वेंटी-२० खेळ , ११ डिसेंबराक जातलो भारतीय वेळेप्रमाण सांजे ७:००क मुल्लानपूर, न्यू चंदीगडातल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमात हो खेळ जातलो.